स्पन्दन

भास कोंकणी आवसु आमची। लिपि देवनागरी उडगासु दवराची।।

Date of Publication : 1st APRIL 2016

सर्वांक नववत्सर शुभाशंसा

केरळ कोंकणी अकादमी
कोच्ची

फुकट वांटप

Supreme
FURNITURE

Beauty
and the Bea

Distributors :

SREE RAM

S.R.T Distributors Pvt. Ltd.

T.D. Road, Ernakulam, Kochi - 682 035. Ph : 0484 - 4000354,
Cell : 94470 64515. Email : srtkochi35@hotmail.com

Formerly SREE RAM STORS - Estd 1948

मुखेल संपादक
सुरेश ए. शेणै
उप संपादक
पी. मनोहर
कोशाधिकारि
आर. के. प्रकाश
वाँगडी
जी. मोहन राव
न्यायोपदेशक
अड.वी.एन. वसन्त कुमार
प्रचार-प्रसार
टी. आर. सदानन्द भट

Graphics by :
K. Santhosh
Mob : 9895212521

मुखचित्र : केन्द्र साहित्य अकादमी पुरस्कार फाव जालेले उदय भैक्रे स्वीकरण्य अनि केरळ कोंकणी अकादमीचे पंडरीनाथ भुवनेन्द्र पुरस्कार 2015 फाव जालेलि जया राजन हांका पुरस्कार वितरण्य 2016 जनवरी 31 तारिकेक चमकीले - ताणे दृश्य। (फोटो : एन. बालकृष्ण मल्या, कोच्ची)

लेखनान्तुली मतां त्या त्या बरोवप्यार्ची

प्रति - ₹ 5/-
वार्षीक - ₹60/-

स्पन्दन

प्रकाशन : केरळ कोंकणी अकादमी, कोच्ची
SPANDAN
Published by :
KERALA KONKANI ACADEMY
8/28, 'Santhery', 1st Floor,
Opp. M.S.C. Bank Ltd., Cherlai Road,
Cochin - 682 002. Mobile : 94477 35849
Email : keralakonkaniacademy@gmail.com

खंड : 5 अंक : 4 1938 चैत्र

संपादकीय

नवें वर्ष प्रारम्भु जत्ता। सर्वांकय नवे वर्षाचे / युगादिचे परबी। नवें वर्ष नवो निर्णयु काडचाक आसीलो सन्दर्भु। आजी सगळे राज्यान्तु कोंकणी भाषेचे विषयान्तु सुमार चर्चा जत्तरी आसा। कोंकणीक अंगीकारु दित्तना, तिज्जी लिपी देवनागरी म्हणूय अंगीकारु दिल्ला। ताजे प्रधान प्रयोजन पूरा भारतान्तु जांवचे कोंकणी प्रवर्तन सगटांकय जाणकारी मेळतली म्हळेलें त। खंचीयि भास आपण्यांक भल्लूचे रूपान बोरोव्नु वच्चुयात। जाल्यार ते भाषेचे एक-रूप अंगीकृत लिपीन जाल्यार मात्र त ताजो विकासु जातोलो। एक कथाकारान संगीलें उडगासु एत्ता। ताणे बोरोवचें कर्नाटकाचे एक म्हैन्याळाक पेटोवनु दिवचें आनी तान्नि तें कन्नडा लिपीन उजवाडांवचे, कथाकृत्ताकचि समजूक जायना ! इत्तूलकी कष्ट काणु त कोंकणी स्वतन्त्र भास जावनु अंगीकारु घेत्तलो। भाषे लिपी विषयान्तु तर्क-वादु कोरनु ताजो प्रयोजनु कोंकणी जनांक निषिध जांवचा नज्ज। ह्यो निर्णयु जावो नवे वर्षाक आमचो विषयु।

कोच्ची,
01-04-2016

सुरेश ए. शेणै,
मुखेल संपादक

With best compliments from :
S. RAJESH
Mob : 9048331177
VINAYAKA JEWELLERY WORKS
Cherlai Bazar, Kochi - 682 002
WE UNDERTAKE GOLD, SILVER ORNAMENTS & STONE WORKS
Chain, Bracelet, Bangles, Rings, Studs, Pendent, Drops, Pearls, Diamond & Stones and Vazhipadu Items.

कलामालिं सुवचनँ - - अनिता डी. किणी, कोच्ची

"I was willing to accept what I couldn't change"

"मक्का पर्तूक (बदल्शूक) नाव्नत्तिल्लें इत्तेंकि (तें) हाँव स्वीकारूक तय्यार अश्शिलो।।"

25-2-2016, हेमा नायक हंगेले 'अप्रूप ओड' पुस्तकाचे विमोचन जल्ले। कृष्णदास शामा गोंय मध्यवर्ती वाचनालय दुसरो माळो, दृकश्राव्य सभाघर हंगा तँ कार्यक्रमु जल्लोलो।

24-28 डिसंबर 2015 (पाँच दिस्साचे) KV Bhandup दवोर्नु चम्किल्ले शिबिरान्तु भागु घेव्नु 2015 चे Rashtrapathi Guide Award क वेंचून कळळेलीं **प्रथमा एस. भट्** (कोच्ची गोश्रीपुरं सुधीश भट् अनि ज्योतिलक्ष्मी हंगेली सुपुत्री) अनिक **अर्चना पी. मल्या** (कोच्ची अमरावती एस. पद्मनाभ मल्या अनि शैला भानु टी.वी. हंगेली सुपुत्री)। KV2 Colaba हंगा चम्कीले परीक्षा शिबिरान्तु राष्ट्रपति स्कौट पुरस्काराक वेंचून कळळेलो **अनिरुद्ध डी. पै**, (कोच्ची दिनेश एन. पै अनि विजया एस हंगेलो सुपुत्र)। (तेग्गियें कोच्चि INS द्रोणाचार्यान्तु 11 वें वर्गान्तु सिकूंचिं)

कोंकणी केन्द्र-गोश्रीपुर अनि अनुग्रहा चारिटबळ ट्रस्ट आयोजीत **'कोंकणी सप्ताह'** ओवंदु **मेय 1 - 7** तारिकेक 'प्रभाकर ज्योति' (कोच्ची) सभाघरान्तु चलेय्तायि। भागु घेंवचानि अप्रैल 25 भित्तेरि एम. लक्ष्मण किळिकार (Mob : 9037439679) हंका जाणोंव्चाक अपेक्षा करतायि।

दक्षिण भारत हिन्दी प्रचार सभेचे हिन्दी साहित्यान्तु डॉक्टरेट मेळळेलि **सिन्धु एस. पै.** कोच्चीचे वी. सदानन्द पै अनि शान्ता हंगेलि सुपुत्रीयि, अंचिकम्मळ पोषमंगलत्त अशोक कुमार नायक हंगेलि धर्मपत्नीयि तं।

29-2-2016 तृश्शूर :- समग्र संभावनेक अस्सिले 2014 चे केरळा साहित्य अकादमी पुरस्काराक (60 वर्ष दंटवल्यांक अस्सिल्ले) चन्द्रकला एस. कम्मत्त हंकाय वेंचूनु कळ्यां।

With best compliments from :

Prop : M. Vinod Kamath
Mob : 97445 34426

ASHIRWAD TEA SHOP

Vegetarian

Opp. Syndicate Bank, North Cherlai, Kochi - 682 002.

संत कबीरदास दोहा -

एन. लक्ष्मण मल्या, कोच्ची

"छिमा बडन को चाहिए, छोटन को उतपात
कहा विष्णु को घटि गयो, ली भृगु मारि लात।।"

क्षमा व्होड्डांक जांव्का। सन्नांक मस्ति (उड्डि मारचे/ उन्मत्तता) विष्णूक इत्तें ऊणे जल्लें, घेत्तले भृगूले मुस्तप।

म्हल्गडे (महंत लोक/जन) क्षमावन्त अस्सुचे चाँग। निम्न स्वभावा लोग/जन तंका खेळ कोर्नु सग कष्ट दित्तायि। महत् लोग/जन तंचेरि कोपूनत्तिलें क्षमा कर्तायि। हज्जान तंगेले महत्व वडेयता। कबीर विष्णु अनि भृगूले उदाहरण दीन्नु क्षमेचि श्रेष्ठता संगता/समझायता।

संत केशवदासालि हितोपदेश कथा – 13

प्रो. बी. शिवानन्द भट,
पंचाब्जपुरम

"रोड्डो वेदु म्हणता"

उपनयना फूडेचे शुद्धीकरण संस्कारा खातिर ज्ञानदेव अनी भांवण्डां होळे पुरोहितालगि गेलीं। मठान्तले अन्य पुरोहितानि झायतें दुर्वचन सांगून होळे पुरोहिताक मेळूक अनुमति दिल्लेना। ज्ञानदेवान "शुद्धि" विषयारि पुरोहितांलगि तर्क केलें। शास्त्र सम्मत स्पष्ट व्याख्यान ज्ञानदेवाले मुखान्तु थकून ऐकूक तंका आश्चर्य जालें, परन्तु तन्नीं अनुमति दिल्लेना। तगेलें नांव ज्ञानेश्वर - "ज्ञानाचो ईश्वर" म्हणु अर्थ - ऐकून तंका रस्पति दिसली अनी तन्नीं सविनोद सांगलें - तूँ ज्ञानेश्वर जल्यारि थंगा राबले रोड्ड्याक कित्याक ज्ञानाचो ईश्वर म्हणु नांव घालू पाणा ?

पुरोहितांलि धृष्टता दिकून ज्ञानदेवान तंगेलो अहंकार नष्ट करूक निश्चय केलो अनि भगवद्गीतान्तुले उद्धरण सांगलें कि आत्मज्ञान मेळोलो मनुष्य विद्वान ब्राह्मणान्त मात्र न्हंय गायि, सूणे, हस्ती अनी अस्पृश्यान्तूय एक आत्मा असा म्हणु लेकता। अनन्तर संत ज्ञानेश्वर रोड्ड्यालगि वोचून ताजे मस्तकारि हात दवरलो। ज्ञानेश्वरान रोड्ड्यालगि वेदमन्त्र म्हणूक सांगलें, रोड्डो वेद म्हणूक लागलो। सर्व पुरोहित आश्चर्यचकित जाले। मुख्य पुरोहित भायर देवलो, तो हें अद्भुत दिकून ज्ञानेश्वरा प्रति आकृष्ट जालो। ज्ञानेश्वरालो हातु रोड्ड्याले मस्तकारि अस्सिले तेदोळ, रोड्डो शुद्ध वेदमन्त्र म्हणता गेलो। ज्ञानेश्वराले शत्रूलो अहंकार नष्ट जालो, मात्र न्हंय, अनेक जन शिष्य जाले। मुख्य पुरोहितान शुद्धीकरणाचें अनुमति-पत्र दिलें अनी पुरोहितान ज्ञानेश्वर अनी भांवण्डांलो उपनयन-संस्कार केलो।

With best compliments from :
KARTHIKA TIMBER TRADERS
Timber Merchants & Commision Agents
9/1006 (9/1004 B-New) Anakettu Parambu, Pandikudy Road, Cochin - 682 002
Ernakulam (Dist.), Kerala. E-mail : karthika_2008@vsnl.net
R. Venkateswara Pai
Mob : 9847200121
9656210695
Ph : 0484 2210695
Suppliers & Manufacturers of Rubber Wood Packing Cases and Materials

AMBIS RESTAURANT

CC. 8/1216 A, T. D. North Gate, Kochi - 2

Prop : R. KRISHNAKUMAR NAIK
Ph : 9388505339

Sister Concern :

AMBI'S DISTRIBUTORS

CC. 8/1216, T. D. North Gate, Kochi - 2.

Distributors of ELITE CAKES,
KITCHEN TREASURES Curry Powder

AMBI'S FOOD PRODUCTS

Pappad, Fryums, Sauwari Kondattam etc.

With best compliments from :

MEI

For all your requirement in Electro-Medical Equipment in the field of Psychiatry, Physical Medicine Alternate Medicine and Cardiology

Contact :

Mohan's Electronics & Illuminators

941/44, Parinamam Road, Kaloor, Kochi - 17
Phone : 0484 2530788 9847335788
E-mail : dasmohan60@gmail.com

Please visit our Website for full range of Products :
www.mohansmedico.com

सुमनांचें स्मरण -13

कृष्ण नारायण नायक, कोच्ची

"गिन्दल मन्दिरु"

मितृ वृन्दान्तूलि दीपा गीता राधा अनि श्यामा सेयत सुशीला मम्मूथयिं पावलि। मम्मु देवळान्तु वचाक देंवता। घरकडे थाकून हाळोलो फळार उपहार गोविन्द मम्मूक दीवनु तीणे नमस्कार सांगीलो। "तुमीं पावलिं मू लेखान, हांव देवळान्तु वोचून एत्ता। आजी बाकि मित्रं खंय ?" मम्मूले उतरांक सुशीलान जाप दिली "तीं सग्ग तीर्थ यात्रेक-भोंवडेक गेल्यांयि मम्मू। आनि एदे दिसांक तान्नि आसूना। मम्मू आजी आमी एदीं फूलं काडतायि वे ?" "ओ काडाय उत्तूलिं जाय तितूलिं काडाय। कोळे बि तुन्टोवंचाक नज। खान्धे मोडूक नज। तेंकूडेन सन्त काडका" - सांगून फुलां खोटूळंय काणु मम्मु मुकारि सर्लो।

फुलं म्हळ्यारि गोविन्द मम्मूक प्राणु तं। उद्योगान्तु आसतनाचि तस्सि, विराम पावचाकनिक सांगूका नाका। पूर्ण समयु अतं तान्तूचि। थांगा नात्तिलिं फूल झाड वूणे। कसकसल वर्ण, गन्ध, आकार। समर्पित प्रयत्नान रेवें विस्मय प्रकट जांवचे परम तें। वेळु मेळ्यारि एकि पावटि मित्र समेत सुशीलान थंगा वचप। तांकांय तिकाय तें चोवचे आस्वादन कोर्चे बहु प्रियंकर तं। तेदूसचे बगेक एकि योजना तन्नि मेळनु निश्चयु केल्लि, कवडं आड केल्लिं, परमान्तु देवलीं, कार्यनिरत जालीं।

फुल्लं पांववप पांय पडप प्रार्थना-पारायण करप प्रसाद घेवप सग्ग जाव्नु गोविन्द मम्मूक पर्तूक वेळु लागलो। दर्लान्तु पांचयि जाण राकून हासून राबल्यांयि। भित्तरि चडूकनिक तुळसी धडेरि, आंगणान्तु जगलेरि, वसरारी कूडीन्तु आयवन्त भिन्न पुष्प रचना सजल्यायि। गिन्दल मन्दिरा फूल पत्ति केसर देन्ट नन्तना परमान्तु पळेले जायते तरा पल्ले दाळनु तन्नि कलात्मिक दृश्यं घडैल्यायि। सग्ग जोर जल्यांयि। तान्तूयि "पूरमा" सातूलि पर्तपा सरके पनपन्नेरा हस्तयां दृश्य एकावन दिसलें। तांगेले भावनेक संकल्पाक परिश्रमाक मुक्तकण्ठ तांका वांकाणसीलिं। नास्ता करता सणा वर्तमान वर्णन विवरण शुभ्र पतिया छत्राकारा गिन्दल मन्दिराचे-फुल्लांचे पासुनूचि। विन्दुळ्यारि जूं काडूक श्यामाथंयि भायर सर्लेले तांका पांच चिरियान्तु थंगाचीचि पेरं जाम्ब आन्तं आम्बे केळ्यां फोणें आनिक मम्मूले "मास्टर पीस गिफ्ट" गिन्दल मन्दिरा सांगो सेयत बीं बियाळा पाकटंय मम्मून दिलिं। सन्तोषान तांचि मन्नय फुलेलिं - शुभ संवत्सर आगमन सार्थक दिसलो।

With best compliments from :

BHATT'S TIFFIN BOX

PURE VEGETARIAN

R. G. Pai Road, Kochi - 682 002.

Mob : 9846048094
9037901749
9037898519
9995215792

7.30 - 11.a.m	4.30 - 9.30 p. m.
Puttu-Kadala Iddly- Sambhar Vada-Chatni Poori - Masala Idiyappam	Battura, Dosa Items, Parotta & Chinese Food Items etc...

With best compliments from :

VASANTHA CORPORATION

PAPER MERCHANTS

BROADWAY, ERNAKULAM
COCHIN - 682 031



Phone : 2355883

देवालि नीति

- विलासिनी नायक, कोच्ची

देवालि नीति कोण जाण ?
मायेन्तु पळळोलो मनीषु नेण
कर्माकनुसार मेळचे तें फल
भोग्गूनु सोर्ची अम्मि जीवजाल।।

जणता केल्यारीयि नेणता केल्यारीयि
देवु तो लेकीता मोलेक्कचि
चाँग केल्यारीयि बल्लाव केल्यारीयि
फल तो दित्ता, वयरि-वयरीचि

पुत्ताक त उळदीलें अजामिळान
देवूयि पावलो उत्तूल प्रीतीन
नेणता केल्ली चूकि नृग रय्यान
सिर्लो जल्लो तो ब्राह्मण शापान।।

मार्कण्डेयालो तो देवु महेशु
रावणान भोज्जीलोयि तोचि देवु
मार्कण्डेयाक आपत् बन्धु जल्लो
रावणाक कस्सि ताणे हाथु सोळळो ?

सूर्यपुत्रु, सुग्रीवु रामाक जत्ता मित्रु
तज्जान इन्द्रुपुत्रु बाली जल्लो शत्रु
जल्यारि इन्द्रुपुत्रु अर्जुनाक सारथी कृष्णु
शत्रु जल्लो हंगा सूर्यपुत्रु कर्णु।

देवालि नीति कोण जाण ?
मायेन्तु पळळोलो मनीषु नेण !

विभक्त संबन्ध

- प्रो. वी. शिवानन्द भट, पंचाब्जपुरम

हे लोकान्तु आजि संबन्धाक कित्तें मोल ?
तजो अर्थु वोचूनु जल्लें तें मात्र पोल।
आनु भावालो अनि बप्पा पुत्तालो शत्रु,
वाट घुपसांवचो जल्लो तो होडु मित्रु।।

मोगा धूव दित्ता बप्पा नांवारि अन्यायु,
अनि कोणय सांगचो ना लोकान्तु न्यायु।
असमयारि बन्धूचि दवरता पायु,
भाग्य अस्स जल्यारि दित्ता मित्रु सहायु।।

समाजान्तु दिकूयेत्ता अनेक विभाग,
खंतयिं ना झगडें एक चोव्नु सांग।
चेर्डूंव निंवगीतायि तंगेले भाग,
हे मनुष्या ! देवालगि बुद्धि चांगि माग।।

जे कुटुंबजन अस्सिल्ले एक व शक्त,
तेचि जन जल्लीं आजि हा ! अतिविभक्त।
जत्तनिवें अम्मी अनैक्यां थकून मुक्त ?
जंवनावें अम्मी परस्पर अनुरक्त ?

भाक्री कित्याक कर्पली ?

- विठ्ठलराय भट, कारवार

भाक्री कित्याक कर्पली ?
खावचें पान कित्याक कुसले ?
घोडी कित्याक अडली ?
बायल कित्याक रागार जाली ?
फिरयली ना म्हण.

With best compliments from :
VASANTHA JEWELLERY WORKS
Cherlai Bazar Road, Kochi - 682 002.
We undertake Gold 916 and Silver Ornaments
PRASAD S.
Mob : 98476 75125
ശുദ്ധമായ വെള്ളിയിൽ തീർത്ത വഴിപാട് സാധനങ്ങൾ ലഭ്യമാണ്.
എല്ലാവിധ സ്വർണ്ണം, വെള്ളി ആഭരണങ്ങൾ പണിതുകൊടുക്കുന്ന കൊച്ചിയിലെ വിശ്വസ്ത സ്ഥാപനം.
ഓർഡർ പ്രകാരം ജന്മനക്ഷത്ര കല്ലുകൾ, ലക്കി സ്റ്റോൺസ്, ക്രിസ്റ്റൽ, പേൾസ്, കോറൽസ് എന്നിവ ലഭ്യമാണ്.

With best compliments from :

KNG

KNG BROTHERS (EKM)

WHOLESALE & RETAIL CLOTH MERCHANTS

BROADWAY, ERNAKULAM,
COCHIN - 682 031

PHONE : 2352410
Res : 2394090

बाल्य-स्मृतींतूंलें प्रथम कोंकणी नाटक

- सुशीला टी. भट, कोच्ची

सुमार 67-68 वर्षांचे फूडेचो संभवु तां. माका सिखूक स्कूळांत घालचे मुर्थमलीं कायरीं. "भक्त ध्रुवा" म्हळ्ळेलें कोंकणी भाषेचे पुराण नाटक अंगेले गावांतु खेळेयलेलें. त्या समयार 'कुरपळे' नावांचो मिगेलो गांवु केवल एक कुग्राम तां आसिल्लो. पन्नासांपशी वूणे कोंकण्यालीं घरां आस्सिल्लो एक कालु. त्या कालाक तां असलें एक कोंकणी नाटक गावांतु खेळेयताय.

हांव चार-पांच वर्षांची तां आसिल्ली दिक्कून नाटकाचो सगळोच उडगासु मिजे मनांतु ना. जाल्यारीय तांतूलीं थोगडीं संवादां, गींत, दृश्य हें सगटय अत्तांय स्मृतींतु असा. तांतूले थोगडे अभिनेतांकय माका उडगासु असा. नाटकाची वेदी, फोडदो, प्रकाश संविधान हेंवय स्वल्प रूपान मत्यांतु असा.

"गुड्डो मामु" म्हुण कुरपळ्क्कारानी उळदूच्चो एकु पैमामु तां असले नाटक प्रवर्तनाचो सूत्रधारकु अस्सिल्लो म्हुण स्वल्प बुद्धि भरले उपरान्तें हांवे अम्मा-बप्पा लागी थाकून मनांत केल्लें. गुड्डो मामु तागेले युवावस्थेरी गांवु सोणु मद्रासाक गेल्लोल म्हुणूय सुमार काळीं परतून गावांत पाविल्ले कालाक ताजे मत्यार नाटकाचे भूत चळळेले म्हुणूय, ताजे प्रभावान तां ताणे कोंकणी नाटक तैयार केल्लेलें म्हुणूय संगून आयकिल्लें असा. कशी जल्यारीय कोंकणी भाषेक कांय पुणीय प्रसक्ती नत्तिल्ले त्या कालाक मातृभाषेचेर एक नाटक बोरोन्नु, निदर्शन कोरनु, बाकी जनांक सिखोवनु रंग-मंचारी हाडूक आसिल्ले आर्जवय धैर्यय गुड्डो मम्मान दक्कयलें म्हळळेले महत्वपूर्ण कार्यची. तागेले त्या अश्रान्त परिश्रमान कर्तना कुरपळचे कोंकणी जनांक चांग एक नाटक आस्वादन करूक जालें. एक सिनिमा तियेटर सरी त्या कालाक कुरपळे जावो लग्गीचे गावांत जावो ना असिल्लें म्हुण उडगासु करतां.

अनीक नाटका पसून. मिगेले अब्बोले घराची (थरवाड) चौकी (तेक्किनि) तां नाटक वेदी असिल्ली. दर्शक सर्वय अंगणांतु वेस्सलीं. वेदी वडका दिक्काक अभिमुख जावनु तां असिल्ली. रंगमंचारी उजवाडाक पेट्रोमाक्सां अनीक मेणावत्यो, पोणत्यो इत्यादिक. ध्रुव कुमारु जल्लोलो गोपालकृष्ण पै म्हळळोलो एक गुड्डोची चेल्लो. उत्तम कुमार जाल्लोलो मिगेलो म्हन्तालो पूत कृष्ण शेणाय. उत्तानपादु रायु जल्लोलो वेण्सु नावांचो पैमामु, सुरुची, सुनितींगेलो वेषु ददल्यानीच तां घालोलो. जाल्यारी तीं कोण-कोण आसिल्लीं म्हुण मिगेले उडगासांत ना. त्या कालाक नाटकांतु सग्ग तमाशा संगुच्चो

With best compliments from :
Phone : 0488 2432666
Mallaya Jewellers
Ipe Building,
OTTUPARA (THRICHUR DIST.)

With best compliments from:

SHENOY TOOLS & HARDWARES

Broadway Lane, Ernakulam,
Kochi - 682 035



Phone : (O) 2364476, 4025760
Res : 2354673, 4021894
E-mail : dineshwar188@yahoo.co.in

Wholesale Dealers in :

Hardwares, Tools, Bolts, Nuts, Shipchains, Tarpaulins etc...

"बफूण" म्हळळेलें कथापात्र वर्तालें खंय. भक्त ध्रुवांत बफूण जालोलो मिगेलो मामु (अम्मालो धक्कूलो भावु) वेंकट कम्मती तां. बफूणाली बायल जावनु अभिनय केल्लोलो मिगेलो म्हावेलो एक बन्धु पुरुषोत्तम प्रभु (कोच्चीचो).

रंगमंचावेलीं सिंहासनां, रावळारांतुले कर्मचारी परिचारक वृन्द हें सगटय दद्दूलेच तां असिल्ले. हंचो दृश्यांचो एद्दो सग्ग उडगासु म्हाका असा. नारदूय चांग असिल्लो.

बफूणा बायल एक चोंचरी, बुद्धि वूणे आसिल्ली बायल जावनु तां आस्सिल्ली. तीणे म्होळळोलो एक गींतूय अत्तंय मिगेले उडगासांत असा.

"सांबळाक भेंडे वैंगण हाडी ळे बमणा
हाणा जाल्यार तुक्का हांव चेक्या पोळो खावयतली"

मगीर अनियेकु गींतु लागेन मनांत असा. मलयाळ पदां कोळनात्तिल्ले बयलेक बफूणान सिखोवंचो गींतु हो.

"पोट्टाक नांव वयर त्या दोराक नांव कयर
हस्तीक नांव आना त्या सुरणाक नांव चेना
घोड्याक नांव कुतिरा त्या कुळिताक नांव मुतिरा
दुद्दाक नांव पाल त्या बल्लाक नांव वाल"

हो गींत अज्जीय मिजे उडगासांत असा. कशी म्हळ्यार आम्मी चेर्डुवां केदनाय हो गींतु म्होणु भोंवतालीं.

'भक्त ध्रुवा' चें संभाषण, गींत, सग्ग कोणे बरयलेले म्हुण म्हाका समच कळना. सनच ध्रुवान बप्पाले व्हॉटींतु एक बेस्सूचे खातीर मौसी सुरुची लागी मागूचें, गागरेंवचे, तीणे ताका अंबूडचें असलीं संभाषण स्मृतींत असा.

नाटका अन्त्यारी दक्कयलेलें दृश्यय चांग उडगासु असा. तपस्स कोरनु अस्सिल्ले ध्रुवा मुक्कारी विष्णु प्रत्यक्ष जवंचे, देवान ताका वरु दिवंचे, ध्रुव नक्षत्र जावनु ताणे आकाशारी वच्चे सग्ग. रंगमंच सगळेंच काळूक कोरनु पंजीर्या समान एक नक्षत्र-तंतु पोणती जोळोवनु दवरली- संत संत ऊंच वच्चे दृश्य अज्जीय हांव विस्सेरलेना. लोक्कान वज्जिल्यो ताळियाचो शब्दूय अत्तय मिगेले कन्नांत गुंजता.

With best compliments from :
IMC The Complete Digital Store
International Marketing Co.
39/4755 A, IMC Tower, Madhavan Nair Road,
Ravipuram Jn., Ernakulam, Cochin - 16.
Tel : 0484-4135000,4135001, 3018068,
3018067, 3018070, 3018069, 2374820
Fax : 0484 2374820
E-mail : imc@asianetonline.net
AUTHORISED DISTRIBUTOR FOR DELL AND SONY
Dealers in Computers, Peripherals, Network Solutions

With best compliments from .....

Premnath
Mob : 98471 24217

SURYA BOOK HOUSE

MARKET ROAD, CONVENT JUNCTION,
ERNAKULAM, KOCHI - 682 011
Phone : 0484 2363721

NCERT, CBSE, ICSE, College Books,
Engineering Books Etc....

नियाळूंक : देवान तशें करूंक नाका आसलें

- फिलोमिना साँफ्राँसिस्को, मुंबय

त्या गांवचो समाज सेवक तो. समाजाच्या हिता खातीर वावुरपी. वावुरपाचें सवंग तरी करपी. आनी तेंवूय सारखें जमलेंना जाल्यार, आपल्याक दिसतल्या आपल्या निश्कळंक शिलाचें प्रदर्शन तरी करून घेवपी.

दुभावी वाटेंतल्यान एकटायल्ल्या दुडवांनी ह्या समाज सेवकान आपले खातीर त्या गांवांत, सगळे तरेच्यो आधुनीक सवलती आसलोलो, बंगलो, बांधलोलो. गांवांतल्या कांय गरीबांक रावपाक धड झोंपडी लेगीत नासली म्हूण ताका कसलो फरक पडपाक आयलोलो? तांच्या वायट कर्तूबांक लागून तांचेर तसले वायट दीस आयल्यात म्हूण सांगून तो तांच्याय आनी आपल्याच्याय दोळ्यांक पानां बांधून, हुस्क्या विरेत आसलो. मौजा मारीत, भोंवड्यो करीत आसलो.

आनी, असोच एक दीस तो आपली विदेशांतली भोंवडी करून परत आपल्या गांवांत आयलो. घरा पावच्या आदींच, वाटेक ताका ताच्या वाड्यांतलो एक जाणटो मनीस मेळ्ळो. जाणटेलो अस्वस्थ आसलो. आपल्या समाज सेवकाक पळोवन ताच्या जिवांत जीव आयलो. ताचे बगलेक धांवत वचून जाणटेल्यान ताका ती खबर सांगलीच. म्हळें, "सायब, तूं भोंवडेर आसतना हांगासर वादळ जावन म्हजें आख्खें घर उबोन गेलें. कांयच उरलें ना. वार्यार पडलां हांव सायब. कितें करचें तेंच समजना म्हाका. सायब, तूं तरी....." समाज सेवकान ताचें उलोवप सोंपच्या आदींच, ताका मदींच थांबयत म्हळें, "पळे, हांव तुका सदांच शिकायतालों की तूं तुज्यो वांकड्यो संवयों सोडून दी म्हूण; तुजें पातकी जिवीत निटायेर हाड म्हूण. पातकांक आनीक कसलो इनाम मेळटलो म्हूण चिंतालो तर तूं ? तुज्यां पातकांक लागोनूच तुका हें दुर्दैव फावो जालां" जाणटेल्याच्या पातकी कर्तूबांक लागोनूच देवान ताका ही स्वास्त फावो केल्या म्हणपाचें समाज सेवकान ताका पटोवन दिलेंच.

जाणटेल्याची निराशा जाली. गेल्लो आशेन आनी शेरमांव जालो फिरंगी भाशेन म्हणलेले परीं गत जाली ताची. समाज सेवकान खातरेन जाणोवन दिलेलीं, जळखो नासलेलीं आपलीं पातकां स्वीकारलींच तार्णें. आपल्या पातकी जिविताक लागूनूच आपल्याक हो

With best compliments from :
Proprietor :
Sivaram B.Prabhu
Phone : 0484 - 2381342
Mob : 98470 56521
PRABHU'S Banana
Wholesale Banana Merchant
Basin Road, Ernakulam, Kochi - 682 035

With best compliments from :

DIWAKAR & COMPANY

RICE MERCHANTS

BasinRoad,
Ernakulam - 682 031.

TIN : 32070218354C

Phone : 2355936
2367485
2367484

दंड भोगचो पडला म्हणपाची खातरी जाली ताची. तरूय, एके गजालीची ताची खातरी जाली ना. घोंधोळ्ळो तो. चितूंक पडलो. तरूय कुवाडें सुटलें ना. समाज-सेवका कडल्यानूच सोडोवन घेवपाचें थारायलें ताणें. भियेत भियेत म्हळें, "पूण सायब... सायब, तुजेंय घर ह्या वादळान व्हावून गेलां. निशाणी लेगीत उरूंक ना."

"अशें ? !!!" आड्डलो तो समाज सेवक. भिरभिरी मारली ताका. जाणटेल्याचो कसो समजूत घालचो कळ्ळें ना ताका. जाणटेल्याक कसो पिश्यांत काडचो तेंच चिंतूक पडलो तो. शेवटीं, कोण कोणाक पिश्यांत काडटा तें चितीनासतना जाणटेल्याक पटोवन दिवपाचो यत्न करीत म्हुणो लागलो, "हुं !! हुं !!! देवाचे घुट देवूच जाणा. देव वांकडे वळींनी नीट बरयता. देव वायट धाडटा तें बर्या खातीरूच. हें वायट देवान म्हज्या बर्या खातीरूच धाडलां जावंक जाय. पूण, तें आसूं. म्हजें घर व्हांवून गेलें म्हूण म्हाका दुख ना. म्हाका दुख इतलेच खातीर आसा की देवान तुका घरा विरेत असो उबोंत घालूंक नाका आसलो. तुज्यां पातकांचें फारीकपण, तुजेर इतलें व्हड अद्रुश्ट धाडून, तुका फारीक करूंक लावंक नाका आसलें. देव तुजें सवें इतलो क्रूर जांवक नाका आसलो. खरेंच, देवान तुका तशें करूंक नाका आसलें."

हुं !!! अशेय बी सभागी आसतात.

कर्नाटका कोंकणी साहित्य अकादमी पुरस्कार - 2015

बहुमानार्थ (आदरसूचक):- भास अनि साहित्य - रामचन्द्र एम. शेट, कला - कासरगोड चिन्ना, लोककला - अलु पीलु मराती. **कृतीक अस्सिले** :- ओम गणेश उप्पूण्डा- 'बाईला भाडे बाईला' कृतीचे भाषान्तराक, रोणी अरुण - 'तों कणान्तुलो जुझारि' म्हळेले पुस्तकाक, फा. डेन्निस कॉसलिनो - 'दळित' (लेखनं). **युवा पुरस्कार** :- राजाराम प्रभु (संगीत), नसरुळ्ळा अस्केरि (खेळु), अञ्जलि विल्सन (नृत्य)। पुरस्कार 6-3-2016 क भटकल (उत्तर कन्नडा) नागयक्षे सभा भवन हंगा दोनि दिस्सांचे कोंकणी उत्सवान्तु (मार्च 5, 6) दवोर्नु वितरण केल्लें।

संसार पाडवो (युगादि)

- यु. के. पै, पुत्तूर (कर्नाटका)

आमगेले देशान्तु वर्साचे
शुरुवेचे दीव्सु संसार पाडवो।
तेदना दोरनु नवे वर्ष
म्होणु ल्याक, सांगताति म्हाल्गड्यो।।
करताति जेवणाक विशेष
चणेदाळि मडगणे आनि रसवोडो।
जीवनान्तु सुख दुःख समान आस्सो
म्होणु वांटिताति कोडबेव गोड।।

With best compliments from :

Phone : 2384678, 3042529
Res : 2371326
Mob : 98953 00868
Email : vasudevagencies@gmail.com

VASUDEV AGENCIES

40/8740, T. D. East Sannidhi Road, Ernakulam, Kochi - 682 035

GI Fittings, CP Bathroom Fittings, GM Valves & Cocks, PVC Pipes, PVC Valves, Pipe Fittings

गणेश स्तुति

- पी. आर. जिनि बाई, मुव्वाटुपुषा

भज रे गणनाथम्
मानस भजरे गणनायकम (2)

भुज गणेशम विघ्न विनायकम
सिद्धि विनायकम श्री जय गणेशम (भज रे)

बुद्धि प्रकाशकम है गणनायकम
त्रिजगन्मूलम भुवनाधारम (भज रे)

ओंकार रूपम त्रिदेवमूलम
भुवन प्रकाशकम कल्मषदहनम (भज रे)

"अ" कार तो ब्रह्मा
"उ" कार तो विष्णु
"म" कार महेश
एक साथ ओंकार (भज रे)

गौरी सुत प्रिय महेश
प्रथम सुमर श्री गणेश
गिरिजा नन्दन जय गणेश
शंकर पुत्र श्री गणेश (भज रे)

लम्बोदर श्री गणेश
मूषिक वाहन श्री जय गणेश
मोदक प्रिय श्री जय गणेश (भज रे)

शरणम शरणम गजानना
शरणम शरणम गजवदना (भज रे)

भासेचे ओरु

- एल. सुब्रह्मण्यन, त्रिप्पूणित्तुरा

आजी कित्ते दीसुवे, अयतारु
फला दीसु ते सोम्मारु
तिस्सी एत्ता मोंगळ्ळारु पोरा
एवेरा दीसु ते बुधवारु
काळी जाणु गेलो शनिवारु
पोयरी ते असी सुखरारु
एवेरी पोडलोलो बिरिस्तारु
तीस्सी एयले सात दीस.
मंगसे असा तीनी दीस
मुक्कारी असा तीनी दीस
हेच्चा भासेरी असा इस्सी
अस्सा इस्सी कोंकणी भासेरी.

कोच्ची, 20-3-2016 - विश्व कोंकणी केन्द्र मंगळूरान्तु थाकूनु डॉ. पाण्डुरंग आर. फलदेशाय आनी बरमातंग वरणाकर हाँचे नेतृत्वारि, कोच्ची अमरावति श्री जनार्दन देवळा अंगणान्तु चलनु येवचें गोड्डे रामायण अनुष्ठान कलारूपाचे पूर्ण दृश्याविष्कार चमकीलें। फालगुन मासाचे शुक्लपक्ष द्वादशी दिस्सा तं गोड्डे चमकूचे।

विश्व कोंकणी केन्द्राले कोंकणी कलारूपं डिजिटल रूपान कोर्चे कार्यक्रमाचे भागु जावनु तं गोड्डे धरलेले।

With best compliments from :
Phone : 2369636
2370271
SANITARY
Fittings and Hardwares
XL/2829, Jews Street, Ernakulam, Kochi - 682 031
Dealers in : Sanitary wares, Glazed Tiles, CP, Bath Room Fittings, PVC/GI Pipes and Fittings, Brass / Gun Metal Valves etc.

ഉത്സവാശംസകൾ...

VINOD SWEETS
ANNELI ANGADI
8/1770,KOOVAPPADAM
PHONE:0484-2210755,9400997099
100% VEGETARIAN HOMELY FOOD
KOOVAPPADAM-KOCHI-2

YRB

YASORAM

BUILDERS

CREDAI
KOCHI

YASORAM ARL HEIGHTS

YOU WILL LIVE RIGHT AT THE CENTRE OF THE CITY!

Kacheripady Jn., Behind Proposed MG Road Metro Station, Kochi.

Area: 1797 sq. ft. (3-BHK) / 2570 sq. ft. (4-BHK)

Building permit no.: MoP1/CoC/1226/14

- 17 storeys, 50 premium luxury apartments
- Dedicated parking at ground-floor and first-floor
- 10 floors of 3-BHK apartments (4 units on each floor)
- Top 5 floors hold 10 units of 4-BHK apartments (2 units per floor)
- Dolby Atmos equipped mini theatre - for the first time in Kochi

Building permit no. KRP2/262/13/CoC/0389/13

Other ongoing project in Kochi

THE abode
A Yasoram Asha Latha Venture

Off Thammanam - Pullepady Road, Kochi

Call: +91 98477 55550, +91 98470 55550

Convent Road, Kochi - 682 035,
Tel: +91 484 2366726, 2352271, 2352437,
2373830. E-mail: manju@yasoram.com
www.yasoram.com

bsi. ANAB

ജൈവ മാലിന്യങ്ങൾ
സ്വന്തം വീട്ടിൽ
സംസ്കരിക്കൂ.
പച്ചക്കറി കൃഷി ചെയ്യൂ.

Chief Consultant: **ARS Vadhyar** | We undertake all types of design & construction activities

astraa



Change the personality of your kitchen with kitchen components from Shivani, the one-stop-store for world's finest brands in the city – Sleek , Hafele, Enox, Blum, Hanwha L&C, Vestal Solutions, ZIP Kitchens etc. Customised kitchens as per your space, storage and budget with unmatched after sales service. Visit us to make your dream kitchen come true.



SHIVANI
Designer Hardware

Near Padma Junction, Off. M. G. Road, Kochi, INDIA.
Tel. : (0484) 238 1338 / 236 2062

blum HÄFELE FUNCTIONALITY FOR YOU ENOZE Sleek Hanwha L&C ZIP KITCHENS Vestal Solutions

रस्मति - आर. के. प्रकाश, पळ्कूर

Dr. P. N. N. सिंह
डॉ. प्रश्नु ना नरसिंह
SSLC, PDC, BSc.,
MBBS (3 times)

व्यसनकुल भीष्म मामु : भायर कोयलूवे दोन सिंह आसीले। पिड्डो पोणु एकूय, नार्लु पोणु दुसेरोय खलास जालो। इत्तें कर्तलो डॉक्टर ?

डॉक्टर - प्रश्नु ना, एक सिंहाचे फोटो भित्तर लम्बेयल्यार पूरो। दृष्टि दोपूय ना जातोलो।

* * * *

गोविन्दु : डॉक्टर, गेल्ले एक वार जल्लो, वायल स्वता उल्लोन्नु घरान्तु चाल्लीयो घालता !

डॉक्टर - जाल्यार तुक्का अत्तवें येंवचाक दिसल्यां ?

गोविन्दु - डॉक्टर, हांवें लेक्किलें ती फोणारि उल्लेयता म्हणु तं !

रवीन्द्र भवन, मडगांव (गोंय) - 2016 मार्च 4 - 6 तारिकेक अस्मिताय प्रतिष्ठान अनि राजभास संचालनालयाच्या जोडपालवान 'अस्मिताय उत्सव' घडेय्लें। पुस्तक प्रदर्शनयि, चित्रकला सर्त, भासाभास इत्यादि कार्यक्रमयि अस्सिल्लें।

आळें (കടങ്കഥ / Riddles)

तीनि दोळे अस्सयि
जल्यारि, तीनि दोळ्यांचो न्हयि।

नार्लु

परणी म्हण्णी



- श्रीदेवी सुरेश प्रभु, कोच्ची

- ❖ गोडॅ ना वोच्चो
  गोडॅ उत्तर ना वे ?
- ❖ गोड्डा भरणेन्तु हातु घल्लोलो
  गोडॅ खाव्नत्तिल्लें रक्तोलो वे ?
- ❖ गोडॅ अस्सिल्ले कॅडे मूंयि
  म्होवु अस्सिले कॅडे मूसु।
- ❖ गोड्डा गुळियेनॅ गॅळो कतरपॅ।
- ❖ गोडॅ उलेयतल्यांचेरि जांव्का
  एकु दोळो।

कोंकणी - മലയാളം - English

- शैलेप कम्मत. एम., कोच्ची

कोव्वु - കരിമ്പ് - Sugarcane
पेंयदार/ सक्कर - പഞ്ചസാര - Sugar
गोडॅ - ശർക്കര - Jaggery
कल्कॅण्डॅ/खडी सक्कर - കൽക്കണ്ടം - Sugar Candy
गोड्डा पांकु - ശർക്കര പാവ് - Molasses

With best compliments from :

Phone : 2877682

രുചിയേറും
ഭക്ഷണത്തിന്

KAMMATH HOTEL
(VEGETARIAN ONLY)
ERAMALLOOR P. O.

With best compliments from :

Phone : 98460 53544
98461 36644

555
Gold

INDIAN BASMATI RICE

EXTRA LONG GRAIN PREMIUM QUALITY

GOSRI AGENCIES

8/1304 (Q1), Palace Road,
Cochin - 682 002.

PRODUCE OF INDIA

सुभाषित

माया जी.कम्मत
कोच्ची

"माता च कमलादेवी पिता देवो जनार्दनः।
बान्धवाः विष्णुभक्ताश्च स्वदेशो भुवनत्रयम्।।"

कोणांक की लक्ष्मीदेवी समान अस्सिलि आवसूयि, विष्णु समान अस्सिलो बप्पूसूयि, विष्णु भक्तां समान अस्सिले बान्धवयि अस्सयि, तस्सले मनुष्यांक स्वदेशूचि तीनि लोका समान तं। (तस्सलो मनीषु तं ये लोकान्तु भाग्य केल्लोलो)

सूर अपायकारक

- ए. पी. भानुप्रकाश, पच्चाळम, कोच्ची

फांतोडेर एक भोंवर
मधु पिवपाक चड्लो
एक कमळा भित्तेरी
अल्प मधु पिवचाकय
दिसलें ताका जायतें पिवूंक.

मधु चड पिंवनु पिंवनु
न्हिदलो तो उन्मत्त जावनु
गेल्ली सावुद्द तागेली
गेल्लो उगडास घरकडेचो
सांजवेळा कमळ कोळो जालो
कांय नेणता नेणता भोंवर
न्हिदलो सुखान कमळा भित्तेरी

रात्रि जागलो भोंवराक
आयलो उगडास घरकडेचो
वायल आनी चेरडू एकलेंच
कित्तें करतोलो ? भय दिसलें भोंवराक
भायर वचपाक जालें ना ताका
रडून रडून रात्रि पूरा वसलो तो.

फांतोडेर कमळ परतून फुल्लेलो
गेल्लो वेगीन भोंवर घरकडे
ना कोणीय तागेले घरकडे
ना तागेली वायल, ना तागेलें चेरडूं
खंय गेल्लीं ? कित्तें जालें तिंकां ?

घराकडेक बसला एक व्होड वेवो
गेल्लीं भोंवरालीं वायल आनी चेरडुं
त्या व्होड वेव्या पोटांतु
अत्यन्त दुःखित भोंवर
रडून रडून वसलो.

भोंवराक तेन्ना दिसलें
"म्हजे पिंवपा निमित
आयली दुर्घटना तांकां"
"ना, पिंवचो ना आनीक मधु
हांव आज साकून"
केली प्रतिज्ञा भोंवरान

DD 9 - चन्दना : 28-2-16 - चित्रकार ओं गणेश जाव्नु कासरगोड चिन्ना हंगेले संदर्शन। 13-3-16, 19-3-16 वंटवाळ तेरु कार्यक्रमु अस्सिल्लो।।

With best compliments from :

Phone : 9847275478

COCHIN VINYLS

8/1813, Town Hall Road, Koovappadom, Cochin - 2.

Mfrs. of : POLYTHENE BAGS, SHEETS, COLOUR TUBINGS, L. D. GROCERY COVERS, BLACK GARBAGE BAGS (1ST QUALITY), H. M. GROCERY COVERS, H.M. SILKY SHEETS & L. D. RUBBER RAINGUARDING SHEETS

Zebra
OFFICE
FILE

Box Files
File Folders
Plastic Files
Card Files
Tag Files &
Clip Files

Since
1975

The Manufacturers of Largest selling
Office Files in South India

Contact : 4/1158, Cherlai Bazar, Cochin - 682 002.
Phone : 9447027307, 2226524, 2223681
e-mail : exports@zebrafiles.com www.Zebrafiles.com



പഞ്ചാക്ഷരമന്ത്രസ്തോത്രം
മലയാളം ആശയാനുവാദം
VPP Rs- 250/-

പാതഞ്ജല യോഗസൂത്ര
പ്രവചനം
(സമാധി പാദം)

For copies
Contact

Published By
Sree Jayamangala Prakashan
8/332-D, R. G Pai Road, Kochi-2
Ph 0484-2226425, 9447027307
www.sreejayamangala.org
books@sreejayamangala.org

सुनीति

बायलाँ खातिर (ददल्यांकय) - उषा आर. भट, हैदराबाद

सामग्री

1.	नरलाचें ना शियळ्याचें उद्दाक	- ½ लि.
2.	सुरेय तन्दूलु (ओरोवु)	- 500 ग्रां
3.	नरलाचि सोयि	- दोन मूष्टि
4.	तंबडो दादु फोवु	- एक मूष्टि
5.	शक्कर (पेंयदार)	- तीन चिपट (चंचे)
6.	मीट	- वहु ऊणेचि
7.	तूप	- पोळे काडूक

नरलाचें उदकान्तु एक चिपट शक्कर मेळोव्नु धा घंट्यांक अम्बसेंव्वाक सोडका। तेचि समयारि सूरेय तन्दूलूयि फुग्गूक उदकान्तु घालका। धा घंटे उपरान्ते अम्बसेल्ले नरलाचे उदकान्तु, फुग्गेयलोलो तन्दूलूयि, फोवूयि सोय्योयि घालनु पोळ्या पिट्टाचे लेक्कान लान कोर्नु वट्टून काडका। पिट्टान्तु वरलेले दोन चिपट शक्करयि, मिट्टयि घालनु चांग प्रमाणी मेळोव्नु आठ/नौ घंट्यांक दव्वोर्का। पीट फुल्लेव्नु (फुग्गो सरि ऊँच) एयलेले जाव्नु पोळोव्यात। उपरान्ते दायि घालनु पीट एक लगेन चांग प्रमाणी खीरोंव्का (तोग्गू पीट अनिक फेणु मिक्स करप)। कयलीरि तूप सारोव्नु सान सान पोळे (तन्दलाचे रोण्टसांचे तुतले व्होड) काडका। रंदयेक भेत्तिल्ले नरला उद्दाक वृथा उड्डोव्नु नत्तिल्ले या प्रमाणी स्वादिष्ट पोळे कोर्यात)।

चेर्डुवांलि चित्रँ



कु. गंगा एन. प्रभु **(13)**। कोच्चीचे निरंजन के. प्रभु अनि श्रीलक्ष्मी हांगेली सुपुत्रि।

New/Renewal of subscription of 'SPANDAN'

1 Year : Rs. 60/-

5 Yrs. : Rs. 300/-

1) By RTGS/ NEFT - Our A/c. No. 43072010010882 (IFSC Code SYN B0004307) with Syndicate Bank, Cherlai Br., Please inform us also by Postcard / Email.

2) If by DD/MO- favouring 'Kerala Konkani Academy' and send to Suresh A. Shenoy, X/1614, Maruthi Vihar, Amaravathy, Kochi - 682 001.

With best compliments from :

Sree Balaji Curtains

duroflex Sulfex Kurl-on

N. Cherlai, Kochi - 2. www.keralaspicy.com

Mob : 9745201545, 9645001545 Office : 3068255

Curtain works, Upholstery works, Blains works, Bamboo Curtains & All kinds of furnishing works
Aluminium Fabrication, Sintex works, Mosquito Netlon works

With best compliments from :

K. H. SHENOY & CO.

16/1235, Thoppumpady,
Kochi - 682 005

Phone : 2233953, 2231574
Res : 2224457
Mob : 98460 36948

പഴഞ്ചൊല്ല്
मलयाळम म्हणि
कुलांत वचर इंचों

"അവനവനാത്മസുഖത്തിനാചരിക്കു-
ന്നവയപരനു സുഖത്തിനായ് വരേണം"

तांगतांले सुखाक कोचें इत्तोंये (जल्यारीये) अन्यालें सुखा दगंकये (खर्त्तारीये) जाव्नु एंवका। स्व-सुखा बरोक जाव्नु दगड्यालो गोंदो कलस्क लगेन आजि मनीषु हिचकिचेना (मगलान मनां)। योंगडे मनीष तंक्का सुखाचि समृद्धीये मेळ्यारीये संतृप्त जायनाये। दगड्यानि दुःख भोगुंचे लगेन दिकूक तें तो चड आशा पांवताये। अमलि तरा चिन्ता (विचारु) मनाँ थकून पन चन्दे (दूर कोचें) तें चांग। अपण्याले चांगपणाक (हिताक) जाव्नु कोंचि कायरिं/कार्य दगड्यांक लगेन प्रयोजनाक (उपकाराक पडता तरि जल्यारि तंतु संतोषु घेंव्यें/पांवचें तरा मनस्थिति अस्सुचें तें उत्तम।।

औषद पंक्ति-50

अड्सेली वोक्कटा

(तुतशिश दैवां)

सुशीला टी. नट, कोच्ची

(मुत्तांत फत्तोरू...) :- पत्थ्य :- फत्तरा रोग्यानी केदणाय चढची उद्दाक पिवंचाक श्रमु काडका. तेर्‌यापान, पच्चूवी भाजी क्याबज (गोभी, फूलगोभी), टोमाटो (ह्यो तरकारयो फूडे कालाक नाय आसिल्यो) इत्यादी सब्ज्यो वर्ज्य तो. तांक्का उद्दाक पीवयात. शिय्याळी, काळीग, चिंबट (जून फुट्टल्लें मोग्गें), पच्चूवी केळी हे सर्वेय खावयात. रोगावस्थेरीय चांग तां. *(..शेष लगी अंकान्तु)*

केरळ - कर्नाटक कोंकणी - सुरेन्द्र एस. प्रभु, कोच्ची	कोंढणी जोड पदां गोंचो - सतीश आय्यकार, कारवार	गोंय आनी केरळ कोंकणींतलें अंतर - एन. बालकृष्ण मल्या, कोच्ची
कपला फडाफडी - मन्या दुक्कि दुकि (किरकीर)	काळकि - चाश्रि	मासण - केदनाय
गाळाना - सांवता	मूच्चि - मूत	सासणाचें - केदनायचें
कपूलं - (मन्ये) भुडकुळो	आकाश - पाताळ	सावन/थावन/साकुन - थकून
मण्ण दूर सर - मन्द दूर सर	रात्रि - दीसु	खटलें - घरकार्णि/प्रियतमा
मन्नारतोरि - हापूर	भंगार - रुप्पे	खाट - खट्लें
तादूद - तखर्दीन	तर्गाडि - विगडि	लेगीत/मुद्दां - लगेन
हादि/वट - वाट	दुकान - मकान	वोव - वोव
	नवर - होकल	वोवो घालप - वोव्वो घालप
	लग्न - मूंज	हुयेल मारप - वोव/वोव्वो घालप

With best compliments From :
Email : prasanthrshenoy@gmail.com
Mob : 94463 53614
9746217352
Padmapriya
FLOWER MART & LOTTERY AGENCIES
4/936, M.B. Lane, North Cherlai, Mattancherry, Kochi - 682 002.

With best compliments from :

Estd. 1953

THE MATTANCHERRY SARVAJANIK CO-OPERATIVE BANK LIMITED No. 3284

Head Office : P. B. No. 142, Cherlai, Kochi - 682 002.
Phone : 0484 - 2223373, 2223122, 2223617

Step in any of our branches at :

MAIN BRANCH,	PALLURUTHY BRANCH	MOOLAMKUZHY BRANCH
CC 4/1166, Cherlai,	CC 18/635, ESI Road,	CC 15/901, MKY Jn.,
Mattancherry,	Palluruthy,	Moolamkuzhy
KOCHI - 682 002	KOCHI - 682 006	KOCHI - 682 002
Ph: 2224096, 2221315	Ph : 2232396, 2234817	Ph : 2221214, 2221314

FINANCIAL POSITION AS ON 31-01-2016

Authorised Capital	:	₹ 1000 Lakhs
Paid up Capital	:	₹ 384 Lakhs
Reserve and Other Funds	:	₹ 302 Lakhs
Deposits	:	₹ 12817 Lakhs
Loans and Advances	:	₹ 8775 Lakhs
Working Capital	:	₹ 13358 Lakhs

R. NAVEEN KUMAR
(Chairman)

V. JAYAPRASAD
(General Manager)

जाय कोंकणी

- टी. उमेश भट, कोच्ची

मातृभाषा अंगेलि कोंकणी भाषा
माते समान कोंकणी भाषा
संस्कारान श्रेष्ठ कोंकणी भाषा
देवनागरी लिपीन कोंकणी भाषा।।

लज्ज सोणु उल्लोव्या कोंकणी भाषा
अभिमानान उल्लोव्या कोंकणी भाषा
साहित्यान भरलेली कोंकणी भाषा
श्रवणाक मधुर ती कोंकणी भाषा।।

कोंकणी भाषेक मानु दिक्कुयां
कोंकणी भाषा प्रचारु कोरुयां
कोंकणी सिक्कुक प्रारंभु कोरुयां
अम्मि कोंकणी म्होणु गर्वान संगूयां।।

कोंकणी भाषेचे पुस्तक वच्चूयां
कोंकणी भाषेचे गीत म्होणुयां
कोंकणी भाषेच्यो कणियों अय्क्कूयां
अंगेले चेर्डुवांक मार्गदर्शि जावुयां।।

वेंकटपति

- बी. रत्ना बाई, कोच्ची

दरिशन दी वेंकटपति
दया करि अम्चेरि..... हरि (दरि)

कोटि सूर्य तेजस्वि तूँ
कारुण्याचो सागरु तूँ
भक्तवत्सलु दीनदयालु
जगल्पिता तूँ.... सर्वेशु (दरि)

तुग्गेलीं दिव्य चरण
भक्तजनांक एक शरण
कर्ताय अम्मि तुक्का वन्दन
करि देवा तूँ अम्का तारण (दरि)

अन्तर्यामि परमात्मा तूँ
सर्वसृष्टि पालकु तूँ
सर्वकालारि तुग्गेल उडगासु
जंव्याक करि अनुग्रहु।। (दरि)

तुलसीदास भजनां

- के. अनन्त भट्ट, कोच्ची

आत्तं थंय नष्ट हो, आनी तें जावचें ना।
रामकृपेन भवराति ती गेल्ली आनी तें पातलांवचें ना।।
पावलों नाम चंदि चिन्तामणि हृदयाचि निसरावचें ना।
श्यामरूपी शुचि सुन्दर साण ती, चित्त भांगार झरौंचें।
परवश जाणून हासलों हीं इन्द्रीयां, निज वशांतु ना हासचें।
मना भवराक प्रतिज्ञेन तुळसी, रामपद पद्मारि बैसचें।।

6-3-2016 अण्डिकडव (कोच्ची-8) -पद्मश्री एन. पुरुपोत्तम मल्या हंगेलो 'अण्डिकडव सासष्ठी देवराय कम्मत्ति शिलालिखित आनन्दपुरेश वेंकटेश शतकम' म्हळेले कोंकणी पुस्तक श्री आनन्द पुरेश वेंकटेशाले चरणकमलांचेरि अर्पण कोर्नु प्रकाशित केल्लो।

With best compliments from :

Phone : +91 484 2212804
3068278

Gosris Perfumers

Essential Oils, Perfumes, Aroma Chemicals etc.

4/944-A, Dr. J. A. Bhat Road, North Cherlai, Cochin - 682 002.
Email : gosrisperfumers09@yahoo.in

With best compliments from:

ANGS

Estd. 1900

A. N. GUNA SHENOY & SON

Broadway, Ernakulam, Kochi - 682 031

Phone : Off : 0484 - 4025896
Grams : GUNSON

Dealers in :
Hardware, Paints & Fireworks

अर्जुनाले गुडीयेरी हनमन्ता चित्र

- वी. पी. भट्ट, कोच्ची

पाण्डवालो वनवासा कालु. वनवासा कालारी तंगेलीं आयदूवँ युधिष्ठिराले कूडांतु त दवरल्यायि. एक दिसा अर्जुनाक आयदूवँ जांवका जल्लीं. ताणे युधिष्ठिराले कूडांतु चोणु आयदूवँ कळ्ळीं. ते वेळेरी द्रौपवी ते कूडांतु अस्सिल्ली. द्रौपदी अस्सिले समयारी ते कूडांतु इतर बम्मूणानि वच्चावाणा म्हेणु तन्नी मुरतमचि निश्चयु केल्लोलो अस्स. तो निश्चयु गुस्पायल्यारी प्रायश्चित जावनु एक वर्षाक तीर्थ स्नानांक वच्चूका म्होणु तं. अर्जुनान ती गुस्पसि केल्ली दिक्कून तो एक वर्षाक तीर्थ स्नानांक गेल्लो. उत्तर भारतांतुले भारि पुण्य तीर्थांतु स्नान कोरनु जायते महर्ष्यांले अनुग्रहूय काण घेव्नु अर्जुनु रामेश्वरांतु पवलो. थंगा समुद्रा तीरारि सेतूरि स्नान कोरूक अयलो. लंकेरि वच्चाक श्रीरामचन्द्रान सेतु बंदीले स्थल तं तें. थंगा दोवोर्नु अर्जुनान आलोचन केल्ली. अपार शक्तिशालि जल्लेल श्रीरामचन्द्रान सेतु मंदूक ये मंकडालो सहायु इत्या काणधेतोलो? तंगेले अस्त्रान सेतु मंदूयात अस्सिलो मू. यो संशयु ताणे थंगा समुद्रांतु स्नान करताल एक ब्राह्मणा लगि निंवगीले. तका जाप दिल्लेलि समुद्रा तीरारि खेळनु भोंवताले एक मंकडान तं. तश्शि सेतु मंदिल्लो जल्यारि हांव एक उडकि मरत्तरीचि तो सेतु मोणु पडतोलो अस्सिल्लो. ये अयकून अर्जुनाक कोपु अयलो. ताणे संगीले, हांव अस्त्र सोणु सेतु मंदीता. तू मोडशि वे ? मंकड तयार जल्लें। अर्जुनान अस्त्र सोणु एकु सेतु मंदीलो. मंकडान उडकि मरलि. सेतु मोणु गेल्लो। अर्जुनान दुस्सेरीयि सेतु मंदीलो. मंकडान उडकि मारचानीक तोवोयि मोळ्ळो. तवळि अर्जुनान संगीले, हांव तिस्सरीयि सेतु मंदीता. योवोयि तू मोळ्ळो जल्यारि हांव जीवत्यागु कोरतोलो. जायत म्होणु मंकडान सांगीलें. अर्जुनान सेतु मंदीलो. मंकडान तोवोयि मोळ्ळो. अर्जुनु जीवत्यागु कोरूक तय्यार जल्लो. तवळी समुद्रांतु थकून एक ब्राह्मणा रूप उंचारि अयलें. ताणे संगीले, एक तिस्सरे व्यक्त्या मुक्कारि दोवोर्नु शर्त दोवोर्का. अनीक निश्चय कोरका. अतं मिज्जे मुक्कारि अर्जुन सेतु मंदो. मंकड उडकी मारो. सेतु मोणु पळ्यारि अर्जुन जीवत्यागु कोरो. अर्जुनूयि मंकडयि सहमत जल्ले. अर्जुनान सेतु मंदीलो. मंकडान उडकि मारलि. सेतु मोळ्ळोना. ते जवंचानीक तक्का मन्नां जल्ले. मुकारि रव्वीला देवु तं म्होणु. श्रीरामचन्द्रु म्होणु मंकडानय श्रीकृष्णु म्होणु अर्जुनानय संगून ते देवा मुक्कारि साष्टांग नमस्कारु केल्लो. तं मंकड हनुमन्तु तं अस्सिलो. देवान सांगीले, हनुमन्ता! तू अर्जुनाले गुडियेरि चोणु बेस. भारत युद्धांतु अर्जुनाक शक्तीयि, धैर्यय दी. तशी हनुमन्तु अर्जुनाले गुडियेरि पवलो. देवाले दयेनयि हनमन्ताले शक्तीनयि अर्जुनाक युद्धांतु विजय प्राप्त जल्लो. ❁

With best compliments from :

H. MOHAN KAMATH
Ph : 7034146979

AROMA FOOTWEARS

Opp. T. D. High School, Near Pai's Ice Cream, Palace Road, KOCHI - 682 002

Dealers in all kinds of Footwear Manufactured by Bata, VKC, Paragon, Lunar etc.

With best compliments from :

V. DASA PRABHU & SONS

TEA MERCHANTS

BAZAR ROAD
KOCHI - 682 002
Phone : 0484 2224780

BRANCH AT :

GOPALA PRABHU ROAD
ERNAKULAM
Phone : 0484 2350683

नारी

- कु. अञ्जली किणि, कोच्ची

कोणालीय धूव ती कोणालीय भयणी
कोणालीय सून ती कोणालीय पत्नी
कोणालीय आवसु ती कोणालीय मांय
ह्ये लोकाक मुक्कार व्होरूक नारी ती जाय।

वत्ता ती आवसु-बापसूले घर सोणु
तीणे गेल्लेले घरान्तु येत्ता ऐश्वर्य चोणु
दोनि कुटुम्ब ती एकमळे करता
तांगेले कुल ती मुक्कार व्हरता।

घरान्तुले म्हलगड्यालगि तिक्का भक्ति
बमणाले अर्ध ती, कश्शि शिवाक शक्ति
घर चोंवकयता तिग्गेली युक्ति
मोहा बंधना थकून ना तिक्का मुक्ति।

ह्ये संगिल्लो कालु शेण्डूनु गेल्लो
कलीन कालु ह्यो प्रदूषित केल्लो
नारी शक्ति म्हळळेले नाव्वान खेळताय
बायल्याले कान भोर्नु वाट घुस्पायताय।

ददल्यान कोरचे बायल्यान केल्यार इत्तें ?
ह्यो प्रश्नु कोरनु हून करताय मत्तें
प्रकृतीन दिल्यां तांका मस्त वरदान
तन्तु कोणाक अत्तं ना अभिमान।

कर्तव्य विस्सोरनु दूर न्हय धांवका
सग्ग दिक्कारीय तिज्जे शें हाथय पांवका
धर्म-कर्माचे साक जावो कितलय भारी
तें उब्बारनु व्होरची तीचि तां नारी।

चंदीणे

- लीला डी. शेणै, तोरवूर

श्रावण मासा सप्पन दिकूनु
तुग्गेल दोळ्यां फूलुद्देने
संजे वेळारि कोणे तुज्जे
चन्दतोण्डारि कुङ्कुम लायले (2)

चोयता चोयता दोळे भोरु
दिस्सता मक्का तुक्का चोयल्यारि
मिज्जेलग्गि उलेयता म्होणु
मिज्जे मुकारि नंचता म्होणु (2)

उत्तूल वर्ष फूडे तूवे
उद्देन्न रब्बीलाकाशान्तु
वृष्टि पोडूक अयकिलोना
त्यप्टि करूक रब्बील्लोना (2)

श्रावण मासा पुन्नव एत्ता
शिर्वोणेत्ता अवुंगेले गांवां
शिरशिर जवुचे पवसालगी
शरण करूक संगीनेयम्मि (2)

पवसा मोड दूर सरले
पवना वरि ओत अयले
असुर सग्ग आसुर नयि
वलि रय्यान दकेयले इत्ते ? (2)

अवताराकय विसोरु नज्ज
अपराधाकय विसोरु नज्ज
चंदीणां तु पुन्नवे योरे
चन्दाय जाव्नु मन्नां योरे (2) *

With best compliments from :
J. LAKSHMAN RAO
C/o. Rao Electronics
T. D. West Road, Ernakulam - 682 035
Phone : 2369976
Mob : 9446469976
Email : jmanurao@gmail.com
YOUTUBE - Search for Videos of KONMAN68

With best compliments from :
Anil R. Bhat
Ajay R. Bhat
Ph. Off : 0484-2226828
Mob : 98475-22268
SSK STEELS
8/28 A, Opp. M. S. C. Bank, Cherlai, KOCHI - 682 002.
Dealers in GC Sheets, CC Sheets, PVC Sheets, Aluminium Sheets, Fiber Sheets, PVC Pipes & Fittings, Sanitary Wares, Welded Mesh, Wire Mesh, Water Tank etc.

गुल्लीयो कित्ति सांगताय - 22

एन. बालकृष्ण मल्या, कोच्ची

(राशियांचो आकारु)..... : तशी चोयल्यार 30 भाग / 30° अस्सिल्ले एक राशिचे :

होरा म्हळ्यार एक राशीचे दोन कुटिके = 15 भाग (15°)

द्रेकाण = एक राशीचे तीन कुटिके = 10 भाग (30°)

नवांश = एक राशीचे णव कुटिके = 3.333 भाग (3.333°)

द्वादशांश = एक राशीचे बारा कुटिके = 2.5 भाग / 2.5°

त्रिंशांशक = एक राशीचे तीस कुटिके = 1 भाग / 1°

('होरा' म्हण्लेलें पद, दिन-रात्र जोडून असिल्ल्या 'आहोरात्र' म्हणनु शब्दान्तु थकून आयिल्यां. पश्चात्य देशान्तु ह्यें 'होरा' पदाचे स्वल्प वेगेळें रूप 'हवर' जावनु आमकां वळखू येत्ता.)

(..शेष लगी अंकान्तु)

RAMRAJ™
RAMRAJ ENTERPRISES
T.D. East Sannidhi Road, Ernakulam, Kochi - 682 035. Kerala
Phone : 0484 2368038, 2381783, 2365102, 3208038
Mob : 098471 83322 E-mail : ramraj_ekm@yahoo.com
KITCHEN ACCESSORIES ❖ ARCHITECTURAL HARDWARE ❖ PAINTS
❖ HOME APPLIANCES : Pureflames, Planet
❖ KITCHEN ACCESSORIES : Hettich, Hitech
❖ FURNITURE FITTINGS & APPLICATION : Hettich Interl, Polo, Handorf
❖ HINGES : AKS, Helix, Sartaj, Chandan, Magnum, Sun
❖ DOOR CLOSERS & FLOOR SPRINGS : Hyper, Royal, Ozone
❖ S.S. HARDWARE FITTINGS : Jwell, Door Inn, Flint, Rich
❖ LOCKS : Bonus, Europa, Crust, Puma, Guide, Vinayak, Archis, Star Saksha, Laxmi, Mobaj, Link, Acme
❖ POWER TOOL : Bullet, Caltex
❖ PAINTS: Berger, Sleek, MRF, Sheenlac, Araldite, Fevicol, Dr. Fixit, Tata Oxide
❖ ALUMINIUM FITTINGS : Gulzar, Crown ISI

एन. एन. पद्मनाभ शेणायि (1908 - 1989)

- जयकुमार शेणायि, कुर्पळे

महन्त जाव्नु जीवन कोर्नु भूमीरि थकून मोक्षु मेळचे जन ऊणे तं। त्यागभरित जाव्नु अस्सिले तंगेले धन्य जीवित लग्गीचे पिळगेक उडगासु व स्मरण कोरूक कारण जत्ता, मार्गदर्शक जत्ता। तश्शि भक्ति मार्गा वट्टेन कोंकणी भासेकय प्राधान्य दीन्नु संस्कार पालन कोर्नु जीवित मुक्कारि व्हेल्लेले त एन. एन. पद्मनाभ शेणायि (मेग्गेलो अड्डे आबु)। 1908 न्तु कुर्पळे गावान्तु श्री निन्तस्थलत्त नारायण शेणायि अनि कावेरि हंगेलो म्हल्गोडो पूतु जाव्नु जन्मु घेत्तलो। धावें (S.S.L.C.) पर्यन्त सिक्कीलो। चेरायि-पळ्ळिपुरं एस. एस. अरया हाईस्कूळान्तु अध्यापक जाव्नु काम कोर्नु 1968 न्तु निवृत्त जल्लो।

यशोदा (सिनेमा निर्माता आर. एस. प्रभूली अक्का) त हंगेली बाय्ल। अनि हंका 8 चेर्डूवँ - पाँच चेल्लियो अनि तीनि चेल्ले।

कुर्पळे देवळान्तु वोच्चूनु ग्रामदेवु श्री बालकृष्णाले नित्य दर्शन घेवप, सेवा करप, भजन म्हणप इत्यादी सग्ग करता करता श्री कृष्णभक्तु जाव्नु वड्डलो। घरा अंगणान्तु कुडुम्बावेले सर्वयि एकमेळ्नु नाटक, भजन, कार्यक्रमु इत्यादि करप अस्सिलें। सग्ग कार्यक्रमयि कोंकणीनचि तं अस्सिल्लें। तन्तु हन्नि रच्चिले गीन्त त म्हणप। नाटकान्तु चेर्डूवँ कृष्णु, राधा अश्शि अनि म्हलगडिं कंसु, वसुदेव, देवकी अश्शि भागु घेत्तालिं। कुचेलालो भागु केद्दणायि हन्नि त कर्तालिं। (स्वजीवितावरि अस्सिल्लो) तंगेलो अभिनयु चोन्नु दर्शकालें दोळे भरताले। नारद जत्तलो मेगेलो आबूयि। निर्भाग्य म्होणु संगूयात तें कायिं (साहित्य जावो गीन्त जावो) अत्तं मेळूक ना।

जल्यारि 1951 न्तु हंगेले 23 कीर्तनँ एकडे केल्लेले एक पुस्तक उजवाडाक आय्लें - "श्रीकृष्ण भक्ति"। दुस्सरे आवृति तें 2008 न्तु छापलें। दोन्नीयि मलयाळम लिपीनचि तं अस्सिल्लें। ह्ये पुस्तका पस्सूनु स्व. पी. जी. कम्मत हन्नि चाँग एक विवरण एक स्मरणिकेरि दिल्लेलें अस्स।

15-4-1989 क विषु दिस्सा श्रीकृष्ण भक्तीनचि तन्नि श्रीकृष्ण दर्शनाक जाव्नु परलोक प्रयाण केल्लें। तंगेली ती उपासना अनि भासे स्नेहु अंगेले कुडुंबान्तुले सर्वयि, सग्ग दीसूयि स्मरण कोर्नु एत्तायि। तंगेले ते गीन्त अतँयि मस्तकडे म्हणतायि।

With best compliments from :
PATANJALI Super Mart
Sree Krishna Swadeshi Store
Mob : +91 9961219500
+91 9495844920
+91 7736214192
Near Sri Kamakshi Devi Temple, Town Hall Road, Koovapadam, Kochi - 682 002.
Grocery items, Cosmetic items, Soaps, Agarbathies, Ayurvedic products, Fruit juices, Food products like Atta, Noodles, Atta biscuits and Ghee etc...

कर्म तकीत फल (रस्पति मात्र)

- गोश्रीपुरं हरिकुमार



Mangala Marine Exim India Pvt. Ltd.
CCXVI / 368, Bhat Memorial Building
Thoppumpady, Cochin 682 005, Kerala, India
Tel: +91 - 484 2231096, 2231730, 2233369, 2238393 - 95
Fax: +91 - 484 2232750
Mail: mangala@mangalagroup.com
www.mangalagroup.com

Reg. No. KERKON/2012/45527
Vol. No. 5 Issue No. 4
Rs.15/-

SPANDAN

Published by : KERALA KONKANI ACADEMY, KOCHI

Registered - No. KL/EKM/732/2015-17
Licence No. KL/CR/EKM/WPP.04/2015-17
Licensed to Post without Prepayment

10th April 2016

Always. LOWEST PRICE . BEST BRANDS . BEST SERVICE . GENUINE OFFERS . GENUINE PRIZES

Pai Mobiles

Pai INTERNATIONAL

Pai DIGITAL

With Best Compliments

Pai International: Bangalore, Mangalore, Udupi, Hassan, Chikkamagaluru, Chitradurga, Kundapura, Bhattkal, Shivamogga, Hubli, Belgaum, Hyderabad

Pai Mobiles: Bangalore, Mandya, Mysore, Hyderabad

Pai Digital: Bangalore

Service / Helpline: 080-42464343

Printed and published by Suresh A. Shenoi on behalf of Kerala Konkani Academy and
Printed at M/s. Prakash Process, Srinivasa Mallan Road, Ernakulam, Kochi - 682 035, Ph : 2350960 and
Published at 8/28, Santheri,1st Floor,Opp. M.S.C. Bank Ltd., Cherlai Road, Kochi - 682002. Editor - Suresh A. Shenoi